**अग्निशामक दलाचे गोंय वैजकी म्हाविद्यालया खातीर**
**रक्त दान शिबिराचे आयोजन**

पणजी, एप्रिल 16, 2020
चैत्र 27, 1942

विविध गटांच्या रक्तांची आपत्कालीन आवश्यकतेची गरज आशिल्ल्यान गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाच्या राज्य रक्तपेटीन केल्ल्या आव्हानाक अग्नीशामक आनी आपत्तकालीन सेवा संचालनालयाच्या कर्मचार्यांनी रोखडोच प्रतिसाद दिलो. अग्निशामक विभागाचे कर्मचारी आनी बिन सरकारी संघटना रोटरी मिड टाऊनचे स्वंयसेवक आनी पणजी विभाग मुख्यालयाच्या परिसरांत रावपी नागरीक हांतून सहभागी जाले. 16 एप्रील 2020 दिसा आयोजीत केल्ल्या रक्तदान शिबिरांक गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाच्या रक्तपेटीत एकूण 50 युनिट रक्त दान केल्ले. वैजकी अधिकारी डॉ. कोरगांवकार आनी तांचे वांगडी ह्या रक्तदान शिबिरा वेळार हाजीर आसले.

डीआय/एनबी/जेए/पीपी/वीजी/2020/1863

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA